Panaji Regional

28th August 2025 7.20pm

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी पंदराव्या भारत-जपान वर्सुकी शिखर सभेंत वांटो घेवपा खातीर आयज सांजवेळा जपान भोंवडेर वतात.
- प्रधानमंत्री जनधन येवजनेक आज ११ वर्सां पुराय जातात.
- भारतीय विशिष्ट वळख प्राधिकरण - UIDAI न देशभरातल्या शाळांक 5 ते 15 वर्सां पिरायेच्या भुरग्यां खातीर वेळार आधार अनिवार्य बायोमेट्रिक अपडेट सुनिश्चीत करपाक सांगलां.
- देड दिसांच्या गणपतीचें आयज विसर्जन जाता.

PM Japan – 100

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी पंदराव्या भारत-जपान वर्सुकी शिखर सभेंत वांटो घेवपा खातीर आयज सांजवेळा जपान भोंवडेर वतात. प्रधानमंत्री मोदी हांची ही आठवी जपान भेट आसतली, आनी तांचे समकक्ष शिगेरू इशिबा बरोबर पयली शिखर परिशद आसतली. हे भेटी वेळार संरक्षण आनी सुरक्षा, वेपार आनी अर्थवेवस्था, तंत्रगिन्यान आनी नवनिर्माण, सयत भारत आनी जपान हांचे मदल्या खाशेल्या धोरणात्मक आनी जागतीक भागीदारीचो नियाळ दोनूय फुडारी घेतले अशें परराश्ट्र मंत्रालयान निवेदनांत म्हणलां.

PMJDY – 170

प्रधानमंत्री जनधन येवजनेक आज ११ वर्सां पुराय जातात. ही जगातली सगळ्यांत मोठ्या आर्थिक समावेशन उपक्रमांपैकी एक आसा.

ह्या निमतान केंद्रीय अर्थ आनी कॉर्पोरेट वेव्हार मंत्री निर्मला सीतारमण हांणी आपल्या संदेशांत म्हळां अर्थीक समावेशन हो आर्थिक वृद्धि आनी उदरगतीचो एक मुखेल चालक. केंद्रीय वित्त मंत्र्यांनी सांगले, PMJDY प्रत्यक्ष लाभ हस्तांतरण (डीबीटी) चो उपेग करून वेग वेगळ्या येवजना अंतर्गत लाभ प्रदान करपाक, रिण सुविधा, सामाजिक सुरक्षा प्रदान करपाक आनी बचत आनी गुंतवणूक वाडोवपाखातीर प्रमुख माध्यमा पैकी एक आसा.
फाटल्या 11 वर्सांत 56 कोटी मायज जनधन खातीं उक्तीं जाल्यांत, तातूंत वट्ट 2.68 लाख कोटी रुपया जमा जाल्यात अशें सीतारामन हांणी सांगलें. 38 कोटी

वयर फुकट रुपे कार्ड जारी केल्यात, जाका लागून डिजिटल वेव्हाराक चालना मेळ्ळ्या अशे तांणी मुखार म्हळें.

प्रधानमंत्री जन धन येवजणे खाला 67 टक्के खातीं गांवगिऱ्या वा अर्द शारी वाठारांनी उक्तीं जाल्यांत, आनी 56 टक्के खातीं बायलांनि उक्तीं केल्यांत, हाचे वयल्यान देशांतल्या दुर्गम वाठारांनी रावपी वंचित लोकांक औपचारीक अर्थीक क्षेत्रांत कशे हाडल्यात हें दिसून येता अशें केंद्रीय अर्थमंत्र्यांनी सांगलें.

UIDAI-SCHOOLS BIOMETRIC - 130

भारतीय विशिष्ट वळख प्राधिकरण - UIDAI न देशभरातल्या शाळांक 5 ते 15 वर्सां पिरायेच्या भुरग्यां खातीर वेळार आधार अनिवार्य बायोमेट्रिक अपडेट सुनिश्चीत करपाक सांगलां. प्राधिकरणाचे कार्यकारी अधिकारी भुवनेश कुमार हांणी हे संबंदी सगल्या राज्यांच्या आनी केंद्रशासित प्रदेशांच्या मुखेल सचीवांक पत्र बरयला आनी ताचे संबंदीत शिबिरां घडोवन हाडपाक सहकार्याची विनंती केल्या. इलेक्ट्रॉनिक्स आणि माहिती तंत्रज्ञान मंत्रालयान एका निवेदनात म्हळां की, UIDAI आणि शिक्षण मंत्रालयान सुमार 17 कोटी भुरग्यां खातीर युनिफाइड डिस्ट्रिक्ट इन्फॉर्मेशन सिस्टम फॉर एज्युकेशन प्लस प्लॅटफॉर्मचेर आधारात प्रलंबित अपडेट्स सुलभ करपाखातीर सहकार्य केला. युनिफाइड डिस्ट्रिक्ट इन्फॉर्मेशन सिस्टम फॉर एज्युकेशन प्लस ही शालेय शिक्षण आणि साक्षरता विभागाच्या अंतर्गत एक शैक्षणिक व्यवस्थापन माहिती प्रणाली आसा आनी शालेय शिक्षणा संबंदीत डेटा एकठांय करता. UIDAI आणि शालेय शिक्षण विभागाच्या या संयुक्त उपक्रमाक लागून भुरग्यांच्या बायोमेट्रीक अद्ययावत करपाक सोंपें जातले अशी अपेक्षा आसा.

ASEAN – 50

परराष्ट्र मंत्रालयान इंडिया फाउंडेशन आणि आसियान फाउंडेशनच्या जोड पालवान आणि गोय राज्य सरकारच्या सहकार्यान आसियान-भारत युवा शिखर परिषदेची 5 वी आवृत्ती 28-31 ऑगस्ट मजगती आयोजित केल्या. केंद्रीय परराष्ट्र व्यवहार आणि वस्त्रोद्योग राज्यमंत्री पवित्रा मार्गेरिटा हाणी आज युवा शिखर परिषदेच्या उद्घाटन कार्यावळीत उलोवप केले. भारत आनी आसियान हांचे मदल्या सामायिक मुल्यांचेर मंत्र्यांनी भर दिलो.

Chavath – 135

देड दिसांच्या गणपतीचें आयज विसर्जन जाता. राज्यातल्या चडश्या गणपतीचें विसर्जन देड दिसांनी करतात. गोंयभर जाग्यां - जाग्यांचेर गणपती विसर्जनाच्यो सुवातो निवळ करून विसर्जनाक गरज ती तयारी करून सज्ज आसात. चडश्या वाठारांनी तळयो , तळीं वा न्हयांनी गणपती विसर्जीत करतात. विसर्जन थळांचेर वाजत- गाजत मूर्ती हाडप , थंय आरती करप आनी उपरांत ... गणपती बाप्पा मोरया पुढच्या वर्षी लवकर या अशें म्हणत मातयेची मूर्त उदकांत विसर्जीत करप अशी परंपरा गोंयभर चालू आसा.

कांय वाड्यांचेर तिसाल आसता. म्हळ्यार दर तिसरे वर्सा गणपती पांच वा सात दिस दवरतात. चवथ हो गोयांतलो मुखेल उत्सव. कामा निमतान घरा भायर आशिल्ले गोंयकार ह्या निमतान गांवघरा येतात.

फाल्यां सावन सार्वजनिक गणेश उत्सवाक लेगीत नेट येवपाक लागता. फाल्यांसावन ह्या माटवांनी मन रिजवणेच्यो सांस्कृतिक कार्यावळी जावंक लागतल्यो. भजन , कीर्तन , मराठी आनी कोंकणी नाटकां तशेंच संगीत आनी नृत्य कार्यावळींचो तांतूत आसपाव आसा.

विसर्जन - 85

गणपतीचे विसर्जन करताना धोक्याची शक्यता गृहीत धरून अंदू दृश्टीचे जवान विसर्जन थळांचेर दवरपाचो निर्णय जाला. दृश्टी एजन्सीच्या म्हणयाऱ्यान ही म्हायती दिली. राज्यात कालच्यांन चवथ सुरू जाल्या. देड दिसांचो गणपती आज पावयतात. पाच दिसांचे गणपती आयतारा पावयतले. हाचे उपरांंत सात, णव आनी इकरा दिसांंच्या गणपतींचे विसर्जन जातलें. दर्यादेगांंवेली 35 सुवातो आनी हेर 12 मेळून 47 जाग्याचेर दृश्टीचे जीवरक्षक आसतलें. मिरामार, कळंंगुट, बागा ह्या दर्यादेगांंनी उदकात वचून बरेच जाण विसर्जन करतात. जीवरक्षक गणपती उदकात वरपाक मजत करतलें. तशेच धोक्याची कल्पना भाविकांंक दितलें. गणपती विसर्जना खातीर सुवातो निश्चीत केल्या.

PIB –130

भारत सरकाराच्या दूरसंचार खातें 3 सप्टेंबराक दक्षिण गोंयात मोबोर हांगा अस्तंत विभागाची एक दीस वर्सुकी सुरक्षा परिशद घडोवन हाडटा. हे परिशदेंत

महाराष्ट्र, गुजरात, मध्य प्रदेश, छतीसगड, राजस्थान, गोंय, दादरा-नगर-हवेली आनी दमन आनी दीव ह्या राज्यांतले आनी केंद्र शासित प्रदेशातले दूरसंचार खात्याचे सुरक्षा यंत्रणा अधिकारी तशेंच केंद्रीय आनी राज्यस्तरीय कायदो अंमलबजावणी संस्था आनी दूरसंचार सेवा पुरवणदार हाजीर आसतले. टेलीकॉम नेटवर्क इंटेलिजेंसचे वाढते महत्व आणि कायदो अंमलबजावणी आनी सुरक्षा यंत्रणे वरवीं दूरसंचार आणि सायबर समन्वयाच्या साधनांचो प्रभावी वापर आदि संयत उदयोन्मुख सुरक्षा बाबींचेर ह्या परिषदेत लक्ष केंद्रित करतले. दूरसंचार खातें, परवानो सेवा विभाग, कायदो अंमलबजावणी यंत्रणा, गृह मंत्रालय आनी दूरसंचार सेवा पुरवणदार हांचे सयत मुखेल भागधारकां आनी अधिकार्यां मदीं घटमूट सहकार आनी धोरणात्मक सहभागाक प्रोत्साहन दिवप हो ह्या परिशदेचो उद्दिष्ट आसा अशी माहिती गोयांतल्या दूरसंचार विभागाच्या महाराष्ट्र परवाने सेवा विभागाचे उप-महासंचालक राजीवकुमार हाणी दिली.

<u>Sushant – 80</u>

आपल्या असामान्य प्रतिभेन कोंकणी नाटकाक नवी उंचाय दिवपी दिग्दर्शक म्हणून नामना मेळोवपी दिगंबर सिंगबाळ हांकां आयज पणजेच्या सांतिनेज वाठारांत मरण आयलें. तांची पिराय ७१ वर्सा आसली. फाटलो कांय काळ ते दुयेंत आशिल्ले.

नामनेचे चित्रकार आनी नाटककार सिंगबाळ हे वेवसायान कलाशिक्षक आशिल्ले. पुंडलीक नायक हाचें "शबै शबै बहुजन समाज" हें नामनेचें नाटक सिंगबाळ हाणी दिग्दर्शीत केल्ले, जें कोंकणी नाटकांत एक मार्गदर्शक चिरो अशे मानतात. नाटकाच्या मळार ताणी केल्ल्या वावराची दखल घेऊन गोय सरकारान 2013 वर्सा तांचो राज्य सांस्कृतीक पुरस्कार दिवन भोवमान केल्लो.

<u>Weather – 40</u>

हवामान खात्यान आज राज्यांत पावसाचो orange अलर्ट जारी केला. आज पणजेंत चडांत चड तापमान 29.2 degrees celcius आनी उण्यांत उणें तापमान 23.6 degrees celcius नोंद जाला. मुरगांवां चडांत चड तापमान 27.4 degrees सेल्सियस आनी उण्यांत उणें तापमान 24 degrees celcius नोंद जालां.